Panaji national

1.7.25 at 6.30pm

Murmu health 45

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आज उत्तर प्रदेशातल्या गोरखपूरात गुरु गोरखनाथ आयुष विद्यापीठाचे उक्तावण केले. विद्यापीठाक भारताच्या प्राचीन परंपरा आणि मूल्यांचे आधुनिक केंद्र म्हणून वर्णन करताना राष्ट्रपतीन म्हणले की ही संस्था फक्त उत्तर प्रदेशा खातीरच न्हय तर पुराय देशा खातीर भलायकी सेवांच्या क्षेत्रात एक मैलाचो फातर थारतली . Byte

Murmu dr. 35

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी तरणाट्या डॉक्टरांक समाजातल्या अशा घटकां खातीर काम करपाचे आवाहन केले ज्यांका वैजकीय सेवांची सगळ्यात चड गरज आसा. कितलेशाच ग्रामीण आणि आदिवासी भागात अजूनय उच्च दर्जाची भलायकी सेवांचो उणाव आसा हे अधोरेखित करून राष्ट्रपतींनी सांगले की byte

PM 80

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला की डिजिटल इंडिया ही एक लोकचळवळ जाल्या आणि आत्मनिर्भर भारत निर्माण करपाक आणि भारताक जगा खातीर एक विश्वा/साई नवोन मेशक भागीदार करपाक ती केंद्रस्थानी आसा. डिजिटल इंडिया कार्यक्रमाच्या धा वर्षांच्या निमित्तान त्यांनी एका ब्लॉगात म्हणला की भारत डिजिटल प्रशासनाकडून जागतिक डिजिटल नेतृत्वाकडे आणि भारत-पयली ते 'जगाखातीर भारत' हे दिकेन वाटचाल करता आहे. तंत्रज्ञानाक लागुन असमानता वाडतली अशे मान पा वाटयाचे, आता ताचो वापर श्रीमंत आणि गरीब हांचेमदली दरी भरून काढपाक करता अशे ताणी म्हळे

Jaishankar 100

परराष्ट्र मंत्री डॉ. जयशंकर हाणी भारत आणि अमेरिका हांचेमदले संबंधांचे कौतुक केले. खास करून फाटल्या २५ वर्षांच्या काळात, दोनुय देशांनी फाटल्या पाच अमेरिकन राष्ट्रपतींच्या काळात मजबूत आणि "खूप सकारात्मक" संबंध अणभवले अशे ताणी नमूद केले. सध्या अमेरिकेच्या दौऱ्यार आशिले डॉ. जयशंकर हाणी सांगले की फाटल्या २५ वर्सांत भारत-अमेरिका संबंधांची ट्रेंड लाइन "खूप मजबूत" आसा कारण अर्थशास्त्र, तंत्रज्ञान, शिक्षण, सुरक्षा आणि ऊर्जा हांच्या संबंधांच्या वटेन काम कर पी संरचनात्मक घटकांकलागुन हे संबंध "संबंधांचे चालक" म्हण काम करतात. परराष्ट्र मंत्र्यान म्हणले की दोनुय देश अतिशय गुंतागुंतीच्या व्यापार वाटाघाटीच्या मध्यभागी आसात आणि भारत आणि अमेरिका व्यापार वाटाघाटी यशस्वीरित्या पूराय कर

तले अशी आशा व्यक्त केली. byte

Sitharaman 55

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हाणी स्टेट बँक ऑफ इंडिया (SBI) क आज ७० वर्सा पूराय जाल्याबद्दल अभिनंदन केले . एका सोशल मीडिया पोस्ट त, सीतारमण हांणी भर दिलो की, २३ हजारां परस चड फांटे, ७८ हजार गिरायक सेवा केंद्रा (CSP) आणि ६४ हजार एटीएमसयत आज SBI ची छाप प्रचंड आसा आणि ती खरेच प्रत्येक भारतीयाची बँकर आसा.

Sports 90

बॅडमिंट नात, कॅनडा ओपन २०२५ ओंटारियोमध्ये सुरू जाली . दादल्या एकोडीत आयुष शेट्टी आघाडीर आसा ताणे २०२५ त यूएस ओपनात पयले वर्ल्ड टूर जेतेपद पटकायल्या उपरांन उच्च स्थान मेळयला . जागतिक क्रमवारीत ३४ व्या क्रमांकार आशिल्लो शेट्टी दुसऱ्या फेरयेत किमान एक भारतीय खेळाडू शंकर सुब्रमण्यमा आड खेळटलो

Imd 50

भारतिय  हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढ, बिहार, ओडिशा, उदेंत मध्य प्रदेश, हिमाचल प्रदेश आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशांत  घोग्यांनी  पावस पडपाचो अदमास काडला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या 7 दिसांत झारखंड, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, मध्य प्रदेश आनी छत्तीसगढ हांगा घोग्यांनी पावस पडपाची परिस्थिती आसतली. दक्षिण व्दीपकल्पिय  भारतांत आयज तेलंगणा आनी दर्यादेगेवेल्या कर्नाटकातुय  अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.